**श्री. गोविंद गावडे हांचे हस्तुकीं आरंभ कलाघराचे उक्तावण**

ता. 4 ऑगस्ट 2021

कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी काल वारखंडे-फोंडे हांगा ''आरंभ कलाघर'' ह्या कला प्रशिक्षण संस्थेचे उक्तावण केले. ''Aarambh by youth of Goa'' वतीन हे कला केंद्र सूरू केला.

ह्या वेळार उलयतना श्री. गावडे हांणी म्हणले, कला मनशाचो आत्मविस्वास वाडयता आनी मनीस निर्भय जाता. कलाकार हो कसल्याय आव्हानाक तोंड दिवपाक तयार आसता कारण तांणी तोखणायेवांगडाच टिकाय सोशिल्ली आसता. प्रत्येक कलाकाराक आपल्या कला सादरीकरणाखातीर पयशांची गरज आसताच अशें ना, पुण प्रेक्षकांकडल्यान मेळपी दाद ताकां समाधान दिता अशें सांगून श्री. गावडे हांणी आपल्या कला सादरीकरणातल्या स्मृतीक उजाळो दिलो.

आरंभ कला संस्थेच्यो अध्यक्ष श्रध्दा नाईक हांणी कला केंद्राच्या कर्यक्रमांची म्हायती करून दिली. प्रशिक्षण केंद्रात झुम्बा, योगा, गोंयचे पारंपारिक संगीत आनी भुरग्यांखातीर कला वर्ग घेवपात येतात.

ह्या वेळार आरती कलाकार विध्नेश नाईक, दिंडी कलाकार सागर बोरकर, सागर नाईक मुळे, केक मेकर आसावरी नाईक, झुम्बा प्रशिक्षक सर्वेश मुरगांवकर, रांगोळी कलाकार भुमेश नाईक आनी आरंभ संस्थेच्यो अध्य़क्ष श्रध्दा नाईक हांचो सत्कार केलो.

संस्थेचे कार्यक्रम यु-ट्युबाचेर पळोवपाक मेळटात. पारंपारिक वाद्यांसयत लोकसंगीत समृध्द करपाचेर संस्थेचो भर आसता. गोंय मुक्ती चळवळीतले पयले हुतात्मे सर्गेस्त बाळा राया मापारी हांका व्हिडिओ-गीतातल्यान यु-ट्युबाच्या माध्यमातल्यान आर्गां ओपपी ही पयली संस्था जावन आसा.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/646

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji